**मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं ४ व्या आंतरराष्ट्रीय हिंदी परिशदेचे उक्तावण**

ता. 15 एप्रिल 2022

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज पणजे इन्स्टिट्युट मिनेझिस ब्रागांझा आनी भाशा सहोदारी हांणी आयोजीत ४ व्या आंतरराष्ट्रीय हिंदी परिशदेचे उक्तावण केले.

ह्या वेळार उलयताना मुख्यमंत्र्यान दोन दिसांच्या आंतरराष्ट्रीय हिंदी परिशदेचे आयोजन केल्ले खातीर इन्स्टिट्युट मिनेझिस ब्रागांझा आनी भाशा सहोदारी हांचे अभिनंदन करून इन्स्टिट्युट मिनेझिस ब्रागांझा ही राज्यांतली एक खुब पोरणी संस्था आसून हे संस्थेन विंगड विंगड कार्यक्रम आयोजीत करून सगळ्यां भाशाखातीर गोंयांत काम केल्ल्याचे म्हणलें.

मुख्यमंत्र्यान फुडें म्हणलें, आमचे सरकार सदाच प्रादेशीक भाशांक प्रोत्साहन दिवपा खातीर काम करतलें. गोंयांत प्रादेशीक भाशांक बरो वाव आसा. आमी हे आदीच गोंयांत कोंकणी भाशेतल्यान पदवी, पद्व्युत्तर शिक्षण सुरू केल्ले आसा. आमच्यो मराठी अकादेमी आनी कोंकणी अकादेमीय मराठी आनी कोंकणी भाशेच्या उदरगती खातीर काम करतात, अशें तांणी म्हणलें.

ह्या वेळार मुख्यमंत्र्याहस्तुकीं सहोदारी आनी भाशा सहोदारी ह्या पुस्तकाचे प्रकाशन केले.

इन्स्टिट्युट मिनेझिस ब्रागांझाचे अध्यक्ष श्री. दशरथ परब, वांगडी सचीव श्री. अशोक परब, श्री. जयकांत मिश्रा, श्रीमती आशा गेहरत आनी हेर मानेस्त हाजिर आशिल्लें.

सुरवातीक श्री. दशरथ परब हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/261

Issued by Department of Information & Publicity

3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji